# संवसारीक मानक दिसा वेवसायिकांची बसका जाली

ता. 8 ऑक्टोबर 2024

संवसारीक मानक दिसा निमतान आयज पणजे भारतीय मानक मंडळाच्या हुबळी शाखा कार्यालयान गोंय सरकाराच्या नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार संचालनालय, उद्देग,वेपार आनी वाणिज्य संचालनालय, वजन आनी माप संचालनालय हांच्या जोड पालवान आनी एमएसएमई विभाग, गोवा चेंबर एण्ड इंडस्ट्रिज, गोंय राज्य उद्देग संघटना आनी हेर उद्देग संघटनांच्या समन्वयान आयोजीत केल्ल्या वेवसायिकांच्या बसकेचे नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार संचालनालयाचे संचालक श्री. जयंत तारी हांच्या हस्तुकीं उक्तावण जाले. "शाश्वत विकास उद्दीश्टां खातीर उत्कृश्ट संवसारीक मानांकना खातीर व्हिजन" अशी 2024 च्या संवसारीक मानक दिसाची संकल्पना आसा.

ह्या वेळार उलयतना श्री. जयंत तारी हांणी उद्देग, वेवसाय आनी वेपार क्षेत्रांत गुणवत्ता आनी दर्जो राखपा खातीर मानांकन म्हत्वाचे आशिल्ल्याचें सांगलें. उद्देजक आनी वेवसायिकांक मानांकनाचे म्हत्व समजून घेवपाक आनी शाश्वत विकासाचे उद्दीश्ट पुर्ण करपा खातीर संवसारीक मानक दीस म्हत्वाचो आसा,अशेंय तांणी सांगलें.

भारतीय मानक मंडळाच्या हुबळी शाखा कार्यालयाचे संचालक श्री. डी. पी. कुमार हांणी येवकाराचे भाशण केले.

गोवा वेवस्थापन संस्थेचे प्रो. डॉ. दिव्या सिंघल हांणी शाश्वताय आनी भारतीय मानांकन- हरित उत्पादकता आनी ईको-फ्रॅण्डली वेवसायक प्रोत्साहन ह्या विशयाचेर भाशण केले.

श्रीमती जेसिका शर्मा हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी सहाय्यक संचालक आशुतोष अगरवाल हांणी निमाणे उपकार मानले.

बसकेक मानक मंडळाचे अधिकारी आनी वेवसायिक उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/554

--
-------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.